आकाशवाणी पणजीच्या

प्रादेशिक खबरा विभागावरवी

Date : 29/08/2026 राष्ट्रीय खबरो 6.30 PM

प्रधानमंत्री

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयच्यान उझबेकिस्तान आनी किर्गिस्तान प्रजासत्ताकांत चार दिसांच्या भोव्न्देर आसात . हे भेटींतल्यान मध्य आशियांत भारताची रणनिती भागीदारी घटमूट जातली असो विस्वास ताणी उत्कायला. वेपार, गुंतवणूक, डिजिटल जोडणी, संरक्षण आनी उर्जा ह्या मळार सहकार्या विशीं उझबेकिस्तानाच्या अध्यक्षा वांगडा ते उलोवणी करतले. उपरांत किर्गिस्तानाची राजधानी बिश्केकांत जावपी 26व्या शांघाय सहकार संघटनेचे शिखर परिषदेत ते वाटेकार जातले.ह्या भेटी वेळार उझबेकिस्तानाची गिरेस्त सैमीक संपत्ती मतींत घेतल्यार खणकाम आनी दुर्मिळ धर्तरी खनिजां आनी तंत्रगिन्यानाच्या हस्तांतरणांचेर भासाभास जावपाची शक्यताय आसा अशी म्हायती उझबेकिस्तानांतली भारताची राजदूत स्मिता पंत हांणी दिल्या.

NTA

राष्ट्रीय चांचणी एजन्सी (एनटीए) हांणी संयुक्त सीएसआयआर-यूजीसी नेट परिक्षेच्या पांचूय विशयांची निमाणी उत्तरपत्रिका जाहीर केल्या. संबंदीत विशयाची उत्तरपत्रिका तपासपा खातीर उमेदवार आपल्या आयडी कार्डाचो वापर करून लॉग इन करूंक शकतात.

अर्थमंत्री

केंद्रीय अर्थमंत्री निर्मला सीतारमण हांणी आयज शिकागोंत मुखेल गुंतवणूकदार आनी वेवसायीक फुडाऱ्यां वांगडा उंचेल्या पांवड्यावेल्या वेपार गोलमेज परिशदेंत उलोवप केलें. भारताची अर्थीक वाड, सुदारणांची गती आनी दीर्घकाळ गुंतवणूक संद हांचे विशीं भासाभास जाली. 'मेक इन इंडिया – फॉर इंडिया अँड द वर्ल्ड' ह्या विशयाचेर जाल्ले बसकेंत उत्पादन, कृत्रिम बुद्धिमत्ता, डिजिटल तंत्रज्ञान, अर्थीक सेवा, मुळावी बांदावळ, अन्न प्रक्रिया, संरक्षण आनी प्रगत तंत्रज्ञान मळावेल्या संदीचेर ताणी भर दिल्लो.

RBI

भारतीय रिझर्व्ह बँकेच्या आंकड्यां प्रमाण 21 ऑगस्टाक सोंपल्ल्या सप्तकांत भारताच्या परकी चलनाच्या साठ्यांत 12.4 अब्ज डॉलर वाड जावन तो 729.3 अब्ज डॉलरच्या विक्रमी उंचायेचेर पावला. ह्या वाडीत परकी चलनाच्या मालमत्तेचो सगळयांत चड वांटो आशिल्लो आनी ती 9.4 अब्ज डॉलर वाडून 591.3 अब्ज डॉलर जाल्या.

राष्ट्रीय खेळां दीसा

राष्ट्रीय खेळां दीसा निमतान प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हाणी मेजर ध्यानचंद हांकां आर्गा ओपली . हॉकी मळार मेजर ध्यान चंद हांचें अतुलनीय योगदान जायत्या पिळग्यांक सदाच प्रेरणा दितले अशें ताणी सांगलें.
तशेच  केंद्रीय क्रीडा मंत्री डॉ. मनसुख मांडविया हाणी नवी दिल्लीत मेजर ध्यानचंद हांका फुलांनी आर्गा ओपली हयावेलार  ताणी सांगले

व्हॉट्सअ‍ॅपाचेर निरिक्षण दवरपा संबंदी केंद्र सरकारान नवे मार्गदर्शक तत्वां जारी केल्याचो दावो सरकारान न्हयकारला. केंद्र सरकारान अशी कसलीच मार्गदर्शक तत्वां जारी करूंक नात अशें पत्र सूचना कार्यालयाच्या तथ्य पडताळणी विभागाने स्पश्ट केलां.

भारतान नेपाळांतल्या खर हुंवारा उपरांत केल्ल्या मजती खातीर नेपाळचे राष्ट्रपती रामचंद्र पौडेल आनी प्रधानमंत्रांनी भारताचे राष्ट्रपती आनी प्रधानमंत्रांचे उपकार मानल्यात. तशेच भारतीय नागरिकांक मरण आयिल्ल्यान तांणी दुख्ख उक्तायलें. मजगतीं, चीनांतल्यान 149 भारतीय नागरिक सुरक्षीतपणान नेपाळांत पावल्यात, जाल्यार 320 भारतीय अजूनय बेपत्ता आसात. नेपाळांत हुंवाराक लागून मरण आयिल्ल्यांचो आंकडो आंकडो 626 जाला आनी 2 हजारां वयर लोक बेपत्ता जाल्यात. बाधित वाठारांनी सोद आनी मजत  कार्यावळी सुरू आसात.

अमेरिकेन आपलीं वचनबद्धताय पाळळी जाल्यार शांतताये विशीं जूनांत केल्ली कबलात परतून सक्रिय करपा खातीर अमेरिकेवांगडा उलोवणी करपाक इराण तयार आसा अशें अध्यक्ष मसूद पेझेशकियन हांणी सांगलें. हे कबलाती प्रमाण इराणान सुमार ९ कोटी बॅरल तेलाची निर्गत केली. मजगतीं, देशांतल्या अर्थीक तणावांतल्यान देशांतल्या उत्पादनाक चालना दिवपाक आनी चलनवाड आनी बेकारीचेर मात करपा खातीर निर्णायक उपाय येवजण्यो करपाचो उलो ताणी मारला.

खेळ
भारतीय बायलांचो क्रिकेट पंगड  फाल्यां दुबय आंतरराष्ट्रीय क्रिकेट मैदानार थायलंडा आड टी-20 आशिया करंड मोहीम सुरू करतलो.
हो खेळ भारतीय वेळाप्रमाण  रातच्या 8:30 वरांचेर सुरू जातलो

हवामान
भारतीय हवामान खात्यान सोमारमेरेन ओडिशात घोग्यांनी पावसा खातीर ऑरेंज अलर्ट जारी केल्या. मजगतीं राज्यान हलको ते मध्यम पावस पडपाचो अदमास खात्यान उक्तायला.

इतल्यान हयो राष्ट्रीय खबरो सोपल्या आमचे फुडले राष्ट्रीय खबरापत्र तुमका आयकुक मेळटले फाल्या सकाळी आठ जावण ४० मिंनटाचेर